Panaji  NATIONAL NEWS 15.06.2026 @ 8.40 AM

मुखेल खबरो

- स्लोव्हाकियाची राजधानी ब्रातिस्लावा हांगा आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी स्लोव्हाकियाचे प्रधानमंत्री रॉबर्ट फिको हांचे कडे चर्चा करतले.
- प्रधानमंत्री मोदी आनी फ्रांसाचे राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन  हांणी नीस शारांत संयुक्तपणान 'भारत इनोव्हेट्स' कार्यावळीचें उक्तावण केलें.
- फ्रांसांतल्या इव्हियन शारांत आयज 52व्या जी-7 शिखर सभेची सुरवात जाता.
- काल रातीं बर्मिंघमच्या एजबॅस्टनांत जाल्ल्या आयसीसी बायलांच्या टी-20 विश्वचषकाच्या सलामीच्या खेळात भारतान पाकिस्तानाक 64 धांवड्यांनी हारयलो.

मोदी 150

स्लोव्हाकियाची राजधानी ब्रातिस्लावा हांगा आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी स्लोव्हाकियाचे प्रधानमंत्री रॉबर्ट फिको हांचे कडे चर्चा करतले. तशेंच स्लोव्हाकियाचे राष्ट्राध्यक्ष पीटर पेलेग्रीनी हन्चीय भेट घेतले. फ्रांसांतल्या निस/ची भोंवडी पुराय केल्या उपरांत प्रधानमंत्री मोदी काल रातीं स्लोव्हाकियाक दोन दिसांच्या अधिकृत भेटी खातीर ब्रातिस्लावा पावले. भारत आनी स्लोव्हाकिया हांचे मदले संबंद आनीक घटमूट करपाची आनी दोनूय देशां मदले सहकार्याचे नवे मार्ग सोदून काडपाची संद ही भेट दिता अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. तशेंच स्लोवाकियाचे  राष्ट्राध्यक्ष पीटर पेलेग्रीनी आनी प्रधानमंत्री रॉबर्ट फिको हांचे कडेन फळादीक चर्चा करपाची आस्त बाळगिता असोय उल्लेख तांणी सोशल मिडियाचेर केला. एकोणीशे त्र्याण्णव वर्सा स्वातंत्र्या उपरांत भारतीय प्रधानमंत्र्यांची  स्लोवाकियाची ही पयली भेट. फाटल्या वर्सा एप्रीलांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी स्लोवाकियाक अधिकृत भेट दिली आनी अंदूं फेब्रुवारींत 'एआय इम्पॅक्ट समिट' खातीर स्लोवाकियाचे  राष्ट्राध्यक्ष पीटर पेलेग्रीनी हाणी  भारताक दिल्ल्या भेटी उपरांत प्रधानमंत्री मोदीची ही भेट जाता. वेपार, गुंतवणूक, तशेंच ऑटोमोबाईल आनी रेल्वे उत्पादन अशा वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी स्लोव्हाकिया कडेन

द्विपक्षीय संबंद आनीक घटमूट करपाची भारताची वचनबद्धताय परतून एक फावट ह्या भेटींतल्यान स्पश्ट जाता.

नीस 160

प्रधानमंत्री मोदी आनी फ्रांसाचे राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांणी नीस शारांत संयुक्तपणान ‘भारत इनोव्हेट्स’ कार्यावळीचें उक्तावण केलें. ह्या वेळार प्रधानमंत्री मोदी हांणी भारत आनी फ्रांस देशा मदल्या घटमूट संबंदाचेर उजवाड घालो. **Byte**
परराष्ट्र मंत्रालयान फ्रान्सातल्या नीस (Nice) हांगा प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या भेटीच्या निष्कर्षांबाबत एका विशेष पत्रकार परिषदेचे आयोजन केले . या परिषदेत प्रामुख्यान प्रधान मंत्री आणि फ्रान्सचे राष्ट्राध्यक्ष इमॅन्युएल मॅक्रॉन मदली द्विपक्षीय चर्चा, तसेच भारत-फ्रान्स मदल्या 'विशेष जागतिक धोरणात्मक भागीदारीक मेळता त्या वाडटी गती या मुद्द्यांर उजवाड घालो. परराष्ट्र सचिव विक्रम मिस्री यांनी ह्या पत्रकार परिषदेत माहीती दिली. यावेळार अतिरिक्त सचिव पियुष श्रीवास्तव, परराष्ट्र मंत्रालयाचे अधिकृत प्रवक्ते रणधीर जयस्वाल आणि फ्रान्सातले भारताचे राजदूत संजीव सिंगला हेय उपस्थित आशिल्ले. अधिकाऱ्यांनी नीस हांगा प्रधान मंत्रयांच्या कार्यक्रमांमधल्या महत्त्वाच्या निष्कर्षांची माहिती दिली. हातुंत 'भारत इनोव्हेट्स'चे संयुक्त उक्तावण आणि नाविन्य/पूर्ण उपक्रम , तंत्रज्ञान, वेपार, गुंतवणूक आनी धोरणात्मक क्षेत्रांमधले सहकार्य अधिक घटट करपाक जाल्ली चर्चा आसपावता. तसेच, या परिषदेत नमूद केले की, दोन्ही फुडाऱ्यांनी भारत-फ्रान्स विशेष जागतिक धोरणात्मक भागीदारीच्या प्रगतीचो आढावो घेतलो आणि वेगवेगळ्या क्षेत्रात सहकार्य अधिक विस्तारपाच्या आपल्या वचनबद्धतेचो पुनरुच्चार केलो

शिखर70

फ्रांसांतल्या इव्हियन शारांत आयज बावनाव्या जी-SEVEN शिखर सभेची सुरवात जाता. तीन दिसांच्या ह्या शिखर सभेंत जी-7 वांगडी देश - कॅनडा, फ्रांस, जर्मनी, इटली, जपान, युनायटेड किंगडम, अमेरिका आनी युरोपीय संघ हाजीर आसतले. वांगडी देशां भायर फ्रांसान भारत, ब्राझील, इजिप्त, केनिया, दक्षिण कोरिया, कतार, साउदी अरेबिया, सिरिया, युक्रेन आनी संयुक्त अरब अमीरात हांकां outreach partner countries म्हूण

आमंत्रित केल्यात. जी-7 शिखर सभेंत भारत 'भागीदार देश' म्हूण वांटो घेवपाची ही तेरावी खेप. फाल्यां 'आउटरीच सत्रांत' प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वांटो घेतले.

नीट 40

पदवी वैजकी शिक्षणांत प्रवेश मेळोवपा खातीर नॅशनल टेस्टिंग एजन्सीन नीट यूजी पुनर परीक्षेची प्रवेश कार्डां जारी केल्यांत. उमेदवार आपले प्रवेश कार्ड एनटीएचे अधिकृत संकेतथळ (neet.nta.nic.in) वयल्यान डावनलोड करूंक शकतात. ह्या म्हयन्याच्या 21 तारखेक दनपारां 2 ते 5 जावन 15 मिनटा मेरेन हि परिक्षा जातली.

हयो खबरो तुमी आकाशवाणीच्या पणजी केंद्रवेल्यान एकतात

आता मुखवेलयो खबरो

निर्मला 160

यूपीआय, मुळाव्या सुविधांचो जलद विकास, रेल्वे व हवाई संपर्क व्यवस्थेतली सुधारणा आनी उद्देगिक कॉरिडॉर यांसारखे उपक्रम भारताच्या अर्थव्यवस्थेत बरेच बदल घडोवन हाडटात अशे केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हाणी म्हळां. बेंगळुरू कडच्या देवनहल्लीत प्रसारमाध्यमांकडे उलयताना त्यांनी एनडीए सरकारच्या फाटल्या १२ वर्षांतल्या कामगिरीचेर उजवाड घालो; हातुंत रेल्वेचे विद्युतीकरण, वंदे भारत गाड्यांची सुरुवात आणि देशभरात नवीन एम्स (AIIMS) आनी आयआयटी संस्थांची स्थापना यांसारख्या बाबीं आसपावता . मध्यमवर्गीयांक थाकाय दिवपाच्या प्राप्ति/कराच्या सवलतीची मर्यादा २.५ लाख रुपयां वेल्यान १२.PANCHATTR लाख रुपयां मेरेन वाढयल्या अशेय त्यांनी नमूद केले. अर्थमंत्र्यांनी सांगले की, कच्च्या तेलाची, खतांची आणि भांगराची आयात रुपयाच्या मूल्यातल्या चढ-उतारांचेर परिणाम करता तसेच खुपशा जागतिक चलनां चेरच सध्या दबाव आसा. परकीय चलन साठो वाटोवपाक मदत करपाक नागरिकांनी भांगर खरेदी आणि इंधनाचो वापर कमी करपाचो विचार करचो, तसेच सैमिक शेती चो अवलंब करचो, असे

आवाहन प्रधान मंत्यानी केल्याचे त्यांनी सांगले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हे भारतातले सर्वाधिक काळ पदभार सांभाळपी वेचुन आयिले प्रधान मंत्री थारल्यात आणि त्यांच्या नेतृत्वाखाला देश दोन हजार सत्तेचाळीस मरेन मेरेन 'विकसित भारत' करपाच्या उद्दिष्टाकडे वाटचाल करतात अशे तांणी म्हळे.

किरण रिजीजू 50

फाटल्या 12 वर्सांत देशांतल्या अल्पसंख्यांक समाजांचें जिवीत, दर्जो आनी एकंदर परिस्थितींत खूब सुदारणा जाल्या अशें केंद्रीय अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्री किरण रिजिजू हांणी म्हणलां. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला सबका साथ सबका विकास ह्या संकल्पने खातीर उदरगतीचो लाव समाजांतल्यान दरेक घटकां मेरेन पावप सुनिश्चित जाल्ल्याचें एका राष्ट्रिय चॅनलाक दिल्ल्या मुलाखतींत केंद्रीय मंत्री किरण रिजीजू हांणी सांगलें.

क्रिकेट 120

काल रातीं बर्मिंघमच्या एजबॅस्टनांत जाल्ल्या आयसीसी बायलांच्या टी-20 विश्वचषकाच्या सलामीच्या खेळात भारतान पाकिस्तानाक CHVSASHT धांवड्यांनी हारयलो. भारतान कट्टर प्रतिस्पर्धी पाकिस्ताना खातीर EKSHE EKYATTR धांवड्यांचें लक्ष्य दवरील्लें. ताका जाप दितना पाकिस्तानान 17 षटकांनी 106 धांवड्यो केल्यो. फलंदाजीचो निर्णय घेत भारतान निर्धारित २० षटकांत ६ बाद १७० धांवड्यो केल्यो . स्मृती मानधनान CHAVVECHALIS चेंडूंत सर्वाधिक ADSASHT धांवड्यो केल्यो. ताचे आदी भारतीय कर्णधार हरमनप्रीत कौर HINE नाणेफेक जिकून फलंदाजीचो निर्णय घेतलो . दीप्ती शर्माक 'सामनावीर' म्हणून घोषित केLI .

हवामान 110

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या स ते सात दिसांनी उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, अरुणाचल प्रदेश आनी आसाम-मेघालयात काय सुवातीनी पावस पडटलो असो अदमास दिला. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण आयज ईशान्य भारत आनी अस्तंत बंगालात काय सुवातीनी पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच फुडल्या चार-पांच दिसांत महाराष्ट्राच्या आनीक कांय वाठारांनी तशेंच कर्नाटक, तेलंगणा, आंध्र प्रदेश, अस्तंत बंगाल, ओडिशा, झारखंड, बिहार आनी दक्षिण छत्तीसगढ ह्या वाठारांनी नैऋत्य पावस फुडें वचपाक परिस्थिती अनुकूल आसा अशें खात्यान सांगलां.

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- स्लोव्हाकियाची राजधानी ब्रातिस्लावा हांगा आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी स्लोव्हाकियाचे प्रधानमंत्री रॉबर्ट फिको हांचे कडे चर्चा करतले.
- प्रधानमंत्री मोदी आनी फ्रांसाचे राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांणी नीस शारांत संयुक्तपणान 'भारत इनोव्हेट्स' कार्यावळीचें उक्तावण केलें.
- फ्रांसांतल्या इव्हियन शारांत आयज 52व्या जी-7 शिखर सभेची सुरवात जाता.
- काल रातीं बर्मिंघमच्या एजबॅस्टनांत जाल्ल्या आयसीसी बायलांच्या टी-20 विश्वचषकाच्या सलामीच्या खेळात भारतान पाकिस्तानाक 64 धांवड्यांनी हारयलो.

आणि इतळ्यांब हयो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो आकाशावणी पणजी केंद्राचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूक मेलटळे सांजेच्या स वरा तीस mintancher नमस्कार